राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो २८.०४.२०२६ @ ८.४० am

- उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन यांनी 'विकसित भारत' घडोवपाक सक्रियपणान योगदान दिवपाचे विद्यार्थ्यांक आवाहन केला

- सिक्किमाच्या 50व्या राज्य स्थापना दिसाच्या समारोप सुवाळ्याक आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावपाचे आसात

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन उत्तर प्रदेशाच्या  दोन दिसांच्या भोंवडेर वतले

- आगामी 'पद्‌मपुरस्कार- 2027' खातीर  नामनिर्देशना/शिफारसी 15 मार्च, 2026 पासून स्वीकाररपाक सुरुवात जाल्या

- आयपीएल क्रिकेटांत आयज पंजाब किंग्स आनी राजस्थान रॉयल्स पंगडा मर्दी,जे 07:30 वरांचेर खेळ जातलो.

राधाकृष्णन

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन यांनी विद्यापीठाच्या शताब्दी सुवाळ्या वेळार, उच्च शिक्षण, नेतृत्व आणि राष्ट्र उभारणी खातीर शेकड्या परस चड काळाच्या योगदानाबद्दल आंध्र विद्यापीठाची तोखणाय केली. हेवेळार उलयतांना त्यांनी आंध्र विद्यापीठाचे वर्णन एक ईतिहासिक संस्था म्हणून केले, जिने राष्ट्रीय विकासात

महत्त्वपूर्ण योगदान दिवपी विचारवंत, प्रशासक, शास्त्रज्ञ आणि फुडारयांच्यो पिळग्यो घडवल्यो त्यांनी राष्ट्रीय संस्थात्मक मानांकन चौकट (National Institutional Ranking Framework) च्या विद्यापीठाच्या दमदार कामगिरीचे आणि गुणवत्तापूर्ण शिक्षण, प्रभावी संशोधन आनी विद्यार्थ्यांच्या सर्वांगीण विकासाप्रती आशिल्या वचनबद्धतेचे कौतुक केले. उपराष्ट्रपतींनी सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांचो उगडास काडलो ज्यांनी आंध्र विद्यापीठाचे कुलगुरू म्हणून काम केले आणि दूरदर्शी नेतृत्व व बौद्धिक उत्कृष्टतेच्या नेटार देशाची उच्च शिक्षण व्यवस्था मजबूत केली. विद्यार्थ्यांक त्यांच्या प्रतिभेचो जबाबदारीन वापर करपाचे आणि वेळेचे प्रभावीपणान नियोजन करपाचे आनी 'विकसित भारत' घडोवपाक सक्रियपणान योगदान दिवपाचे आवाहन केले.

## सिक्किम

सिक्किमाच्या 50व्या राज्य स्थापना दिसाच्या समारोप सुवाळ्याक आयज गंगटोकच्या पालजोर स्टेडियमांर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हजर रावपाचे आसात. ह्या कार्यक्रमाक सिक्किमचे राज्यपाल ओम प्रकाश माथुर, मुख्यमंत्री प्रेमसिंह तामांग 'गोलय', सिक्किमाचे मंत्री आनी जायते खासदार हजर आसतले. मोदी राज्यभरांतल्या 4 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतलें, आनी बुन्याद घालतले. ह्या प्रकल्पांनी मुळावी बांदावळ, जोडणी, भलायकी जतनाय, शिक्षण, उर्जा, शार उदरगत, पर्यावरण, पर्यटन आनी शेती अशा वेगवेगळ्या क्षेत्रांचो आस्पाव जाता. प्रधानमंत्री ह्या निमतान मेळाव्यात उलयतले. सिक्किम सरकार मोदी हांच्या हाजिरेंत 'एकवटाचीं 1000 पावलां' ह्या विशयाचेर आदारीत भव्य सांस्कृतीक कार्यावळ सादर करतलें; जातूंत 1500 वयर थळावे कलाकार वांटो घेतले.

उत्तर प्रदेश 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन उत्तर प्रदेशाच्या  दोन दिसांच्या भोंवडेर वतले. ह्या भेटीच्या पयल्या टप्प्यांत प्रधानमंत्री सांजवेळा वाराणसींत जावपी 'महिला सम्मेलनाक' हाजीर रावपाचे; आनी सुमार 6,350 कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचेंय उक्तावण आनी बुन्याद घालतले. ह्या प्रकल्पांत रेल्वे, रस्ते, उदका वेवस्थापन, भलायकी जतनाय, पर्यटन आनी शारी मुळावी बांदावळ अशा मुखेल क्षेत्रांचो आस्पाव जाता. मोदी दोन नव्या 'अमृत भारत एक्सप्रेस' गाडयांक पाचवो बावटो दाखयतले आनी 'वाराणसी - पंडित दीनदयाल उपाध्याय जंक्शन' हांचे मदीं तिसऱ्या आनी चवथ्या रेल्वे मार्ग प्रकल्पाचो बुन्याद घालतले. ह्या भेटीच्या दुसऱ्या दिसा फाल्यां प्रधानमंत्री हरदोय हांगा  'गंगा एक्सप्रेस वे' उक्तावण करतले. म्ज्ग्ती मोदिनी काल पश्चिम बंगालत सभा घेतली.

राजनाथ

आयज किर्गिस्तानांतल्या बिश्केक शारांत जावपी शांघाय सहकार संघटनेच्या  संरक्षण मंत्र्यांचे बसकेक संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आस्तले. काल ते बिश्केक पावले . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सिंग हांणी सांगलें कि , हे बसके वेळार संवसारांतल्या सध्याच्या सुरक्षा आव्हानां मुखार संवसारीक शांततायें खातीर भारताची वचनबद्धताय आपूण अधोरेखित करतलो. तशेंच आतंकवाद आनी अतिरेक हांचे आड देशाची सातत्यान 'झीरो टॉलरेन्स' भूमिकेचोय  पुनरुच्चार करत्लो  अशें तांणी स्पश्ट केलें.

## मध्य प्रदेश 70

मध्य प्रदेश सरकारन राज्यांत 'समान नागरी संहिता' (Uniform Civil Code) चालीक लावपाची शक्यताय पळोवपा खातीर सरकारान उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन केल्या. हे संबंदी काल आदेश जारी केल्लो. हे समितीचे मुखेली सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश न्यायमूर्ती रंजना प्रसाद देसाय आसतले. ही समिती आपल्या जापसालदारकेचो एक भाग म्हूण मध्य प्रदेशांतल्या समाजीक, संस्कृतीक आनी अर्थीक वास्तवाचो विचार करून उत्तराखंड आनी गुजरात ह्या राज्यांनी आपणायिल्ल्या आदर्शांचो अभ्यास करतली. समिती कडेन आपलो अहवाल, तशेंच विधेयकाचो मसुदो 60 दिसां भितर सादर करपाचो निर्देश दिला.

## कबलात 240

भारत आणि न्यूझीलंड मदल्या मुक्त व्यापार कबलातीक लागुन आर्थिक भागीदारी आणि संधींच्या एका नवीन युगाक चालना मेळटली. न्यूझीलंडान मुखार पंधरा वर्षांत भारतात २० अब्ज डॉलर्सची गुंतवणूक सुलभ करपाचे वचन दिला. या मुक्त व्यापार कबलाती प्रमाण, 'विकसित भारत २०४७' खातीर एका नवीन पिळगीच्या व्यापार कबलातीचेर सहमती जाल्या जातुन, शुल्क, प्रतिभा, गुंतवणूक आणि शेती उत्पादकता यांचा आसपावता आनी तो युवक, शेतकार, बायला, कारागीर आणि सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्योग (MSMEs) क सक्षम करतलो. ही मुक्त व्यापार कबलात भारताच्या आयुष प्रणालींक आंतरराष्ट्रीय स्तरार प्रोत्साहन दिता, वैजकीय मूल्याच्या प्रवासाक प्रोत्साहित करतली आणि भारताक जागतिक भलायकी केंद्र म्हणून स्थापित करतली.शेती, मत्स्यव्यवसाय आणि कारखान्यांक आनीक चालना मेळल्या. शेतकरी, ग्रामीण अर्थव्यवस्था आणि देशांतर्गत उद्योगांना संरक्षण मेळचे हे खातीर सरकारन दुग्धव्यवसाय, पशु उत्पादनां आणि कृषी उत्पादनां यांसारख्या प्रमुख संवेदनशील क्षेत्रांक वगळला. 'विकसित भारत २०४७' या संकल्पनेअंतर्गत, जागतिक स्तरार स्पर्धात्मक,

सर्वसमावेशक आणि लवचिक अर्थव्यवस्था जावपाच्या भारताच्या प्रवासात भारत-न्यूझीलंड मुक्त व्यापार कबलात हे एक महत्त्वपूर्ण पाऊल आसा. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि त्यांचे न्यूझीलंडचे सम पदस्थ क्रिस्टोफर लक्सन यांनी मुक्त व्यापार कबलात (FTA) चेर सय जावप हे, दोन्ही देशांमधल्या भागीदारीतलो एक ईतिहासिक रवीण असल्याचे वर्णन केले. केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल आणि न्यूझीलंडचे व्यापार आणि गुंतवणूक मंत्री टॉड मॅक्ले अध्यकपदार आशिल्ले. फाटल्या वर्सा डिसेंबरात अंतिम जाल्या या कबलातीविशी उलयताना गोयल हाणी म्हणले की, ही मुक्त व्यापार कबलात विक्रमी नऊ महिन्यांत पूराय जाली.ही गती विश्वासाची खोलाय आणि सामायिक महत्वाकांक्षा दर्शयता. Byte या कबलातीन न्यूझीलंडच्या निर्यातदारांक भारतात अशो संधी उपलब्ध झाल्यत, ज्यो ताका हे आदी केन्नाच मेळुंक ना मॅक्ले हाणी म्हणले.

पद्म 140

दरवरसा प्रजासत्ताक दिसा 'पद्म पुरस्कार' जाहीर करतात. आगामी 'पद्मपुरस्कार-2027' खातीर नामनिर्देशना/शिफारसी 15 मार्च, 2026 पासून स्वीकाररपाक सुरुवात जाल्या. पद्म पुरस्कारां खातीर नामनिर्देशना सादर करपाची निमणी तारीख 31 जुलै, 2026 आसा. आनी ती फक्त 'राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टल' awards.gov.in चेर ऑनलाइन पद्धतीनच स्वीकारतले.

पद्म पुरस्कार - म्हणजेच पद्मविभूषण, पद्मभूषण आणि पद्मश्री - हे देशातले सर्वोच्च नागरी पुरस्कारांपैकी आसात. 1954 त सुरू केल्ले हे पुरस्कार दरवर्सा प्रजासत्ताक दिसाच्या निमित्तान जाहीर करतात. या पुरस्कारांचो उद्देश नागरिकांनी केल्या 'विशेष कामगिरीचो गौरव करप आसा. हातुत कला, साहित्य आणि शिक्षण, खेळ, वैजकीय, समाजकार्य, विज्ञान आणि अभियांत्रिकी, भौशीक व्यवहार, नागरी सेवा, व्यापार आणि उद्योग अशा सगळ्या क्षेत्रांमधल्या विशिष्ट आणि असामान्य

कामगिरी/सेवे खातीर हे पुरस्कार दितात. वंश, व्यवसाय, पद वा लिंग अशाप्रकारची क्स्लोच कोणताही भेदभाव नास्ताना , सगल्यो व्यक्ती या पुरस्कारांखातीर पात्र आसात. डॉक्टर आणि शास्त्रज्ञ सोडून भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांमदि कार्यरत अशील्या कर्मचाऱ्यांसयत सरकारी कर्मचारी पद्म पुरस्काराक पात्र ना.

गर्मी

फुडल्या गीमाळेच्या म्हयन्यांत उश्णतायेची ल्हारां येवपाची शक्यताय जाणुन राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांनी आपली तयारी घटमूट करची अशें भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान सांगलां. राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या मुखेल सचीवांक बरयल्ल्या पत्रांत भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाची सचीव पुण्य सलीला श्रीवास्तव यांनी नमूद केले की, भारतीय हवामान विभागाच्या अंदाजाप्रमाण, या वरसा एप्रिल ते जून या कालावधीत पूर्व, मध्य आणि वायव्य भारताच्या काय भागांत, तसेच आग्नेय प्रदेशात, सामान्यपर्स चड दिस उष्णतेची लहार उर्पाची शक्यता आसा .

आयपीएल -

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं, दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर जाल्ल्या मॅचींत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून, दिल्ली कॅपिटल्साक 9 विकेटींनी हारयलो.\. मजगती, आयज पंजाब किंग्स आनी राजस्थान रॉयल्स पंगडा मदीं, न्यू चंडीगढांतल्या मुल्लनपूरांत सांजे 07:30 वरांचेर खेळ जातलो.

Announcement 40

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल मेरेन अर्ज करू शकतात